**नौदळाचो गोळीबार सराव- नाविकांक सुचोवणी**

ता.  4 ऑक्टोबर 2021

नौदळावतीन ता. 8 ऑक्टोबर 2021 दिसा सकाळी 9.00 ते दनपारां 1.00 वरां मजगती मुरगांव हेडलॅण्ड सडा-वास्को हांगा 105 एमएम हलकीं तुबकां आनी 40/60 एन्टी एअर तुबकां वरवीं प्रात्यक्षिक गोळीबाराचो सराव करपात येतलो. गोळीबार सरावाक लागून दर्यावटेनच्या 15 नॉटिकल मैल वाठारांत प्रवेश करप धोक्याचे आसा. तशेंच हवेत  7,300 मिटर उंचायेमेरेन गोळीबार सराव जातलो.

ते खातीर सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी गोळीबाराच्या काळांत वयल्या धोक्याच्या दर्या वाठारांत प्रवेश करचो न्हय, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/817

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji